## विठ्ठलापूर-सांखळे 15 नोव्हेंबराक त्रिपुरारी पुनवेचो उत्सव

ता. 7 नोव्हेंबर 2024

कला आनी संस्कृती संचालनालय, पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान 15 नोव्हेंबर 2024 दिसा विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनोवपात येतलो.

त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान विंगड विंगड कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले. सांजेच्या 7.00 वरांचेर भगवान श्रीकृष्ण मिरवणूक, उपरांत वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात दीपदानाचो कार्यक्रम जातलो. 7.30 वरांचेर श्री पांडुरंग देवस्थानच्या प्रांगणात सांस्कृतिक कार्यक्रम, रातच्या 10.30 वरांचेर श्री विठ्ठल-रखुमाईची पालखी मिरवणूक आनी उपरांत पारंपरीक सारंग दिवे मळबात सोडपाचो कार्यक्रम जातलो. पारंपरीक नौकाविहार सर्त रातच्या 10.30 ते 12.00 वरां मेरेन जातली. वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकाविहार सर्त ही उत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसा आनी गोंयासयत शेजारच्या राज्यांतल्यान हजारांनी भाविक ही सर्त पळोवपाक येतात. नौकाविहार सर्तीत पर्यावरणपूरक नौकांचो सहभाग आसता

नौकाविहार सर्तीखातीर पयले इनाम 35 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, दुसरे इनाम 30 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, तिसरे इनाम 25 हजार रूपया आनी रोलिंग ट्रॉफी, चौथ्ये इनाम 20 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र, पाचवे इनाम 15 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र तशेंच प्रत्येकी 8 हजारांची पाच उमेद वाडोवपी इनामां दितले. तशेंच 10 निवडक बोटीक प्रत्येकी 5 हजारांचे मानधन आनी उरिल्ल्या सगळ्यां सहभागी पंगडांक प्रत्येकी 4 हजार रूपया दितले.

चड म्हायती खातीर विठ्ठलापूर साखळी हांगा दिपावली उत्सव समितीच्या कार्यालयांत वा श्री. समिर देसाय मो. नं. 9923119009 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/620

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.